कांसावळेचें रायां - फेस्त

चंद्रकांत केणी

कांसावलेचें रायां - फेस्त

चंद्रकांत केणी

गोवा कोंकणी अकादेमी

कांसावलेचें रायां - फेस्त Kansavalechem Rayam Festa

लेखक : चंद्रकांत केणी Writer : Chandrakant Keni

गोवा कोंकणी अकादेमी Goa Konkani Akademi

उजवाडावपी : वि. मं. धुमे, Publisher : V. M. Dhume,
सचीव, गोवा कोंकणी अकादेमी Secretary, Goa Konkani Akademi,
पणजी - गोंय ४०३ ००१. Panaji - Goa 403 001.

छापपी : श्रीकांत आमोणकार Printer : Shrikant Amonkar
सम्राट प्रिंटर्स, बाणस्तारी, गोंय. Samrat Printers, Banastarim, Goa.

मुखचित्र : प्रा. डॉमनीक कोर्दो Cover : Prof. Domnic Cordo.

पयली आवृत्ती : जानेवारी १९९६ First Edition : January 1996

प्रती : १००० (एक हजार) Copies : 1000 (One thousand)

मोल : २० रूपया Price : Rs. 20/-

अकादेमीचे वतीन

गोवा कोंकणी अकादेमीच्या ''लोकवेद विभागान'' आयजवेर लोकवेदाच्या मळार म्हत्वाचें काम केलां.

गोयच्या वाठारांतलो तशेंच गोयाभायलो कोंकणी लोकवेद पुजावपाचो यत्न जाला. तांचें शास्त्रीय नदरेन संपादन आनी संकलन करून तें उजवाडावपाची प्रक्रिया सुरू जाल्या. गोयचे उत्सव, फेस्तां हांची माहिती, ओडिओ-विडिओ तशेंच फोटवांच्या आदारान संकलन करून दवरल्या.

उत्सव आनी फेस्ता हांची संकलित केल्ली माहिती पुस्तक रुपान उजवाडा हाडपाचें अकादेमीन थारायलें, तेन्ना कांय उत्सवांचेर सचित्र अश्यो पुस्तिका तयार करपाचें थारलें. ह्या वावराची सुरवात म्हूण दोन पुस्तिका तयार करपाचो निर्णय अकादेमीन घेतलो आनी अकादेमीच्या लोकवेद विभागाच्यो संशोधन सहाय्यिका बाय जयंती नायक आनी अकादेमीचे एक वांगडी आनी लेखक श्री. चंद्रकांत केणी हांचेर एक एक पुस्तक तयार करपाची जापसालदारकी सोंपयली.

ते येवजणे प्रमाण ''पेडणेंचो दसरो'' हें बाय जयंती नायक हांगेलें पुस्तक उजवाडा आयलां आनी आतां श्री. चंद्रकांत केणी हांचेकडेन सोंपयिल्लें ''कासावलेचें रायां फेस्त'' हें पुस्तक उजवाडा येता. कोंकणी लोकवेदाच्या मळार ह्या दोनूय पुस्तकांचें स्वागत जातलें अशी आस्त आसा.

पुंडलीक नायक,
उपाध्यक्ष
गोवा कोंकणी अकादेमी

डिसेंबर १९९५

कासावलेच्या रायां फेस्ताविशीं

कासावलेच्या रायां फेस्ताविशी पुस्तिका बरोवन दिवची अशी सुचोवणी गोवा कोंकणी अकादेमीकडच्यान आयली आनी हांवे ती मोटे खोशयेन मान्य केली. कथा आनी निबंधाचे तरेकवार प्रकार आयजवेर हांवें हाताळले असले तरी इतिहास आनी लोकाख्यान हांच्या सिमेवयल्या देवमंदिराचो आनी त्या मंदिराच्या मुखेल उत्सवाचो लोक मानसाचे नदरेन नियाळ घेवपाचो हो म्हजो पयलोच प्रयत्न, असले तरेच्या साहित्य प्रकारच्या प्रांतांत जरी हांवे नव्यानच पावल दवारतां असलों तरी कासावलेचो वाटार हांवें जिवीताच्या आरंबाच्या वर्सांनी म्हळ्यार पायांनी माडयला, दोळ्यांनी नियाळला. थंयच्या समृध्द लोकजीणेची आनी सैमाची अप्रुपाय म्हज्या काळजांत तोखवन घेतला. लोककथा आनी लोकगीतांचीं उतरां कानांनी आयकून तृप्त जालां....

एके तरेन एका संवकळीच्या वाठारांतली लोकजीण आनी लोकमान्यतायेची परिक्रमा आसली. देखून रायांच्या फेस्ताची कथा बरोवंक बसलों तेन्ना, म्हजें लेखन खंयच अडलें ना. तरी पूण हो इतिहास न्हय वा लोकप्रवादाचो आलेख न्हय. कासावले पंचक्रोशींतल्या लोकांच्या - त्या हजारांमदी म्हजोय आसपाव जाता. श्रध्दास्थानाचे, ताच्या फाटल्या कथा-काणयांचें परंपरा आनी मान्यतायेचें ससृध मनान केल्लें हें निवेदन. म्हाका दावो कसलोच करचेलोना. पूण इतले सांगूक सोदतां की कांयकडेन भावार्ताचो अतिरेक जाला अशे दिसलें तरी ते लोकमानाचे उमाळेच आसा.

रेमेतीच्या डोंगराचे फाटीर सारिल्लें भुरगेपण हें पुस्तक बरयतना जागे जालें. साबार वर्सा अणभविल्ल्या आनंदाचे जे खीण म्हज्या मनांत घर करून रावल्यात तसल्या आनंदाचें दर्शन वाचप्यांक घडलें जाल्यार ह्या पुस्तकाचें चीज जालें, गोवा कोंकणी अकादेमीचे प्रयत्न फळादीक जाले अशें हांव म्हणीन.

- चंद्रकांत केणी

मडगांव

कांसावलेचें रायां - फेस्त

गोंयच्या नकाशांत कांसावली ह्या गांवाचें नांव आसता तें रेल्वे स्टेशनाक लागून. मुरगांव - लोंढा रेल्वे मार्गावयलें कांसावली हें एक ल्हानशें स्टेशन. रेल्वेन स्टेशनाखातीर कांसावली गांव पसंत केलो; ताका लागून ते पंचक्रोशींत तोच मुखेल गांव जावन बसलो.

ह्या गांवाच्या लागसार आनीक चार गांव आसात. खरें म्हळ्यार हे पांचय गांव मेळून एक व्हडलो गांव जाता. भुगोलीक, सैमीक आनी समाजीक नदरेन हे पांच सलग गांव एकमेकांकडेन बांदिल्ले आसात. रेल्वे सुरू जावंचे पयलीं मुख्य गांव खंयचो आसलो हाचो सोद घेवंक गेलो जाल्यार अशें दिसून येता की कुवेली, आरशी आनी पाळी ह्या गांवांची व्हडवीक पुर्विल्ल्या काळार गाजताली. कुवेली गांवचे उदेंतेक आशिल्लो दोंगर, जाका 'रेमेतीचो दोंगर' ह्या नांवान लोक वळखतात, त्या दोंगुल्ल्यांच्या रांगांच्या मुळसांतलो गांव. तातूंतय उरिल्ले चारय गांव सामके दर्याचे देगेर आसात. कुवेली मात्सो भितर पडटा. गांवांत वस्ती थोडी आनी पिकाळ शेतां-भाटांचो विस्तार चड हें त्या गांवचें वेगळेपण.

आरशी हो गांव उतड्डे गांवचे शिमेवयलो आनी पाळी गांव सांकवाळ/दाभोळी गांवांक तेंकला. दर्यादेगेन पाळी आनी आरशी हांचेमदीं वेळसांव आनी कांसावली हे गांव आसात. ह्या पांचय गांवांच्या एकवटाविशीं उलयताना गांवचे जाण्टेले मोट्या अभिमानान सांगतातः ''तशें पळोवंक गेल्यार हें पांच गांव म्हळ्यार पांच वाडे. तांकां जोडटा रेमेत सायबीण.''

खऱ्यांनीच रेमेतीचो दोंगर हे पंचक्रोशीचे फाटीचो कणो. भावनीक नदरेन गांवांतले हिंदू आनी किरिस्तांव रेमेत सायबिणीकडेन बांदिल्ले आसात. ह्या पांचय गांवांतल्यान पयसुले दोंगुल्लेचे तेंगशेवयल्या पठाराचेर आशिल्लें सायबिणीचें कपेल दिश्टी पडटा. येतना वतना जेन्ना जेन्ना, खडपार फुलिल्ल्या व्हडल्या मोगरे फुलासारक्या धव्याफुल्ल कपेलाचेर लोकांची नदर वता, तेन्ना तेन्ना ते आसा थंयच्यान सायबिणीक पांयां पडटात. जाण्ट्यांभाशेन भुरगीं लेगीत सोपूत घेतात तो रेमेत सायबिणीचो आनी कसलीय अडचण आयली जाल्यार उलो मारतात तो रेमेत सायबिणीकच.

कपेल हें ख्रिस्ती धर्माच्या लोकांचें देवघर अशें आमी मानतात. पूण

कांसावलीचे पंचक्रोशींत रावतल्या हिंदू समाजाकय ती सायबीण आपली दिसता.

रेल्वे स्टेशनाक लागून कांसावलेक नकाशाचेर स्थान मेळ्लें आसत, पूण वेव्हारांत ह्या पांच गांवांचो चोमो आपले परीन समृद्ध आसा. दर्याची वेळ आशिल्ल्यान हांगा नुस्त्याचें पीक खूब चड. तातूंतय कांसावलेच्या बांगड्यांची रूच वेगळी अशें म्हणटात. तरेकवार नुस्तें मेळटा जाल्ल्यान आदल्या काळा सावन ह्या गांवांत नुस्त्याकडेन संबंद पावतल्या वेवसाय धंद्यांतलीं कुटुंबां खूब आसात. दर्याचे वेळेक लागून गांवांत माड खूब. दर्या वेळेरसावन दोंगराच्या मुळसामेरेन माडांचीं दाट विशाळ भाटां. नाल्लाकडेन संबंद पावतले साबार धंदेय गांवांत चलतात. नाल्ल पाडपी पाडेकार, ते सोलपी लोक, नाल्लाचे वेपारी, सोडणां, कट्ट्यो, काथो, माडाचे वांशे, चुडटां आनी मल्लांचो वेवसाय, तेचभाशेन माडाचो सूर काडून सोरो गाळपी रेंदेर ह्या गांवांनी भरल्यात. भाताचीं शेतां, कणंगां, मुळो, मिरसांग हे सारकीं शियाळीं पिकां जशीं ह्या गांवांत येतात, तेच भाशेन दोंगरी वाठारांतल्यो चीरखणी आनी काजू हांकांय लागून खूबशा धंद्यांक बरकत आयल्या. आदल्या काळारसावन गिमाच्या धगापसून पयस वचूंक सोदतले लोक हे पंचक्रोशींत मुदासाक येताले, आजय येतात. आनी भोंवतणच्या वाठारांतले गोड्या उदकाचे घोगे आनी वझरे हेय लोकांचें आकर्शण जावन आसा.

वळां आनी इगर्जो, जात्रा आनी फेस्तां हीं आमचीं संस्कृतीक दायजां. आमची संस्कृती असल्या देवमंदिरां भोंवतणी आनी तरेकवार सणां उत्सवांनी गुंथून उरिल्ली आसा. एका एका देवळा भोंवतणीं वा इगर्जेचे सावळेंत खूबशो कथा, दंतकथा आनी आख्यायिका विणिल्ल्यो उरतात. कांय अंधश्रद्धेंतल्यान तर खूबशो श्रद्धा आनी भक्तींतल्यान उपजल्यात. सगल्याच आख्यायिकांचो आदार इतिहासांत मेळचो ना वा त्या आख्यायिकांच्या आदारान इतिहासाचो सोद घेवपय समा जावचें ना. तरी आसतना ह्या आख्यायिकांनी आनी दंतकथांनी लोकांच्या संस्कार आनी मान्यतायांचें, श्रद्धा आनी उमाळ्यांचें एक पडबींब पळोवंक मेळटा. विज्ञानाच्या कसाचेर श्रद्धा आनी मान्यतायांक तिजपाचो यत्न केलो जाल्यार तातुंतल्यान हाताक कांयच लागचें ना. पूण समाजाचे भौशीक जिणेचे यम आनी नेम ह्या श्रद्धा आनी मान्यतायांतल्यानच घडिल्ले हें आमी विसरूंक फावोना.

संवसाराचे वेवस्थेमदीं देव, देंवचार आनी अदृश्य शक्तींक एक खाशेलें स्थान आसता. देवावयले श्रद्धेक लागून खूबशो अशो गजाली मनीस करता, जांची गणटी चमत्कारांत जावं येता. देवाच्या भयान मनीस मनीसपणान वागता. देखूनच, जेन्ना एकाद्री आगळीक घडटा तेन्ना ती करतल्याक आमी गुन्यांवकार मानून लोकमानसांत ताका थारो दिनात. एका विचारवंतान तेचखातीर म्हळां, ''देव आसा काय ना हें हांव नकळों. पूण देवावयल्या भावार्ताक लागूनच संवसाराक एक शिस्त आयल्या, जी लस्करी आनी पोलीस दळां हाडूंक पावचीं नासलीं. देखून खऱ्यांनीच जर देव नासत, जाल्यार तो ना हें सिद्ध करचे बदला आमी एक देव निर्माण करून दवरूंक जाय!''

देवमंदिरां - मागीर तीं खंयच्याय धर्माचीं आसूं - आदीमकाळाक सावन लोकमानसाचीं श्रद्धाथळां जावन बसल्यांत. भारतांत आर्य पावले ते आदींय हांगा देवमंदिरां आसलीं. तांचें रूप आनी दैवतांचें प्रतीक वेगळें आसलें तरी श्रद्धा, भक्ती आनी भावार्ताची तरा समान आसली.

मनीसजातीचे संस्कृतीचो विकास ह्या देवमंदिरांचे भोंवतणीं जालो. निसर्गाच्या कोपाक लागून जावं, इतिहासाच्या घडणुकांक लागून जावं संवसारांत सगळेकडेन स्थित्यंतरां जायत रावलीं. तरी श्रद्धा आनी भक्तीचें रूप बदल्लें ना. तशी देवाची कल्पना ही आदीं आकारली. धर्माची कल्पना ही खूब उसरां उपजली. खरें म्हळ्यार भौशीक जिणेक संस्कार आनी शिस्त

दिवपाचे भावनेन धर्म हें उतर घडलें. केन्ना न्हावचें, केन्ना खावचें, चारचौगांत कशें वागचें, कितें करचें आनी कितें करचें न्हय हें सांगपी जी संहिता मनशान घडयली तिकाच धर्म म्हणटात. धर्म हें त्रिकालाबाधित शाश्वत तत्व, प्रकृतीचेर संस्कार करपाचें एक साधन. धर्म हो चराचर संवसाराक उपजत लाभता. देखीक, फातर आसूं वा लाकूड, कीड-मूय आसूं वा गाय - वाग, वनस्पत सृश्ट आसूं ना जाल्यार मनीसजात आसूं, जण एकल्याचे उपजत अशे धर्म आसतात. लासप हो उज्याचो धर्म. उजो लासता आसतना सुकें ओलें पळयना, बरें वायट पळयना, तो लाशीत वता आनी जंय ताका विस्तारपाचीं सोपेपणां मेळटात ते दिकेन तो फाफसता, विस्तारता. भिजोवप हो उदकाचो धर्म. सैमावयल्यान नदर भोंवडायली जाल्यार आमकां दिसतलें, की खंयचीच वस्त आपलो धर्म सोडिना. अनुकूल वातावरण मेळटा तेन्ना ती वस्त आपल्या धर्माचो विस्तार वाडयता आनी जेन्ना वातावरण प्रतिकूल असता, तेन्ना तिचो विस्तार आडावता. पूण मनशाची गजाल वेगळी. ताका देवान हात दिल्यात, बुद्ध दिल्या आनी विवेकशक्त दिल्या. प्रकृतीचेर संस्कार करून संस्कृती घडोवपाची तांक फकत मनशांतच आसा. ही संस्कृती घडोवपाखातीर कितें करचें आनी कितें करचें न्हय हाची देख दिवपी तत्व म्हळ्यार धर्म. एके भाशेन न्हंयच्या प्रवाहाक दिशा आनी गती दिवपाचें काम जे भाशेन तिच्यो देगो करतात, तेच तरेन मनीससमाजाच्या प्रवाहाक दिशा आनी गती दिवपाचें काम धर्म करता.

कालांतरान वेगळे वेगळे पंथ आनी संप्रदाय हांचो प्रभाव वाडलो. हाचें एक कारण भूगोल. भुगोलीक कारणांक लागून वेगळ्या उरिल्ल्या प्रदेशांचो आनी लोक सभुदायांचो संपर्क आनी संघर्श आयला. असो संघर्श हाडपाचें काम इतिहासान केलें. जेन्ना जेन्ना एका समुदायान दुसऱ्या समुदायाच्या वाठाराचेर आपलें वर्चस्व दवरपाचो यत्न केलो, तेन्ना तेन्ना आपणें जिखिल्लो वाठार आपल्या हातांत सुरक्षीत उरचो हे खातीर त्या त्या वाठारांतल्या लोकांक आपलेसारके करपाची सर्त राज्यकर्त्यांमदीं लागून उरताली. आर्य भारतांत आयले आनी तांणी हांगासल्ल्या लोकांक आपले आचार विचार आनी मान्यतायो स्विकारपाची सक्त केली. संवसाराच्या सगल्या भागांनी अशेंच घडलें. एक काळ असो आसलो, जेन्ना लोकांची भास, तांचो भेस, तांचीं दैवतां खंयचीं आसचीं हें राजा थारायतालो. शस्त्राच्या बळाचेर आनी दंडाच्या धाकाचेर लोकजीण आनी लोकधर्म

बदलाचो वावर गधेच्छ जालो. अजूनय वेगळ्या रुपांत वेगळे तरेन तो वावर संवसारभर चल्ला.

गोंयच्या इतिहासांत तेराव्या शेंकड्याचे अखेरेक एक उचांबळाय जाल्ली आमकां वाचूक मेळटा. तेमेरेन हांगासल्ली लोकजीण सथ आनी धादोशी आसली. जंय जय लोकवस्ती आसली, थंय थंय एक देवमंदिर आसलें नवी वस्ती जाली जाल्यार आदीं देवमदिर उबारून ताचे भोंवतणीं रावपाची घरा बादताले. देवूळ ही संस्था धर्म आनी संस्कृतीचें, अध्यात्म आनी विद्येचें केंद्र आसतालें. ज्योतिष, आयुर्वेद सारकेल्या शास्त्रांचो अभ्यास, समाजीक आनी धर्मीक जिणेचे यम, नेम, आनी विधीनिषेध, भ्रश्ट, अनवाळें, सुवेर, सुतक हाची संहिता देवळांतले अर्चक, पुजारी समाजाक समजायताले. सणा उत्सवाच्या वेळार कथा-कीर्तन, नाटक - नर्तन हाचेवरवी लोकप्रबोधनाचें काम देवळानी जातालें. कला, कारागिरी, रागीत, चित्रकला हांकाय देवळांवरवीं उत्तेजन मेळटालें. अशे भाशेन दर एका गावचें देवूळ म्हळ्यार समाजाचें संस्कृती केंद्रच आसतालें. दर एका वाटारातल्यो मान्यतायो, आख्यायिका आनी सैमाचे बदलते रंग हांचेकडेन सुसगत अशी सणां उत्सवाचो आंखणी जाताली.

देव ही एक अदृश्य शक्त. पूण कुडीक प्राण, जिणेंक चैतन्य, बुद्धीक प्रेरणा, दोळ्याक नदर आनी हातांक बळगें दिवपी तें एक तत्व. आपल्या माध्याचेर ताचें एक रीण आसा हें मानून गोंयचे लोक जेन्ना जेन्ना आपलें कसब ओतून वा हूम गाळून जें निर्मिताले तें कृतज्ञतायेचे भावनेन आदीं देवाक ओपताले. पोरसातले पयले फळ, शेतातलें पयलें कणस, इतलेंच न्हय तर आंगार घालपाचे पयले वस्त्र आदीं देवाक भेटोवचें आनी उपरात देवाचो प्रसाद म्हणून ते आपणें न्हेसचें अशी प्रथा अजूनय चलता.

पूण वेव्हारीक जिणेंत देवूळ ही संस्था पावना असो अणभव घेतकच गोंयच्या गावानीं ग्रामसस्था निर्माण जाल्यो. ग्रामसस्थेक ''गावकारी'' अशेय नाव आसा. पुर्तुगज राज्यकर्त्यांनी ह्या सस्थाक ''कोमुनिदादिश' अशें फिरगी नाव दिलें, जें आजूय घोळणुकेंत आसा. दर एकलो गांवकार हो ग्रामसस्थेचो वागडी. शेतकाम, समाज कल्याण आनी गांवची हेर वेवस्था ग्रामसस्था सांबाळटाल्यो. कुट्बातल्या दादल्याक जाण्टेपणाची थारायिल्ली पिराय जायनाफुडें ग्रामसस्थेचें वागडीपण आपसूक मेळटालें. गावची जमीन आनी गावचे उदक हे सगल्या गावाचे मालकीचें. ह्या तत्वाचेर ह्यो ग्रामसस्था निर्माण जाल्यो ह्या ग्रामसस्थांनी गांवच्या उदकाचें आनी

जमनीचें नियोजन केलें. गांवचे रचणुकेची वेवस्था तोखणाय करपासारकी आसली. खाऱ्या उदकाचे न्हंयचे देगेर खाजनां, त्या खाजनांक राखण दिवचे खातीर बांद, बांदाक मानशींची वेवस्था. मानशेंत नुस्तें धरपाची मांडणी, गांवां कणकणी उदकाखातीर तळें, जंय शेताभाटांकच न्हय तर जनावरांक आनी सवण्यांक लेगीत उदक मेळपाची तजवीज. रेंवट आसलें थंय माड, उदक चड थंय कुळागरां, तांचेमदीं विसोळ थंय फळझाडां. दोंगराच्या मुळसाकडेन मड्डां, अनाथ भुरग्यांक आनी विधवांक अर्थीक आदार, अनाथ चलयांक लग्नामेरेन आदार.कुटुंबांतल्या चल्यांक जण. दीस वेगळे आसले. जमीन आसली, पूण ती पिकावळी खाला हाडपाची शक्त उणी पडटाली. अशे तरेन शेंकडे गेले. जेन्ना संकट आयलें तेन्ना लोक गांव सोडून दुसरेकडेन गेले. संकट सोंपतकच परत आयले. राजकी स्थित्यंतराचो समाजजिणेचेर व्हडलोसो परिणाम जालो ना. झुजां हीं झुजामळार जातालीं आनी तांचो धग लोकांमेरेन पावना आसलो. झुजांत जिखता तो राजा. राजा लेगीत आपलो खंड वसूल करपा भायर देवळांचे वा ग्रामसंस्थाचे वाटेक वचना आसलो.

हें शांत जिणेंत पयलो व्हडलो खंड पडलो तो तेराव्या शेंकड्याचे अखेरेक. त्या वेळार देवगिरीच्या यादवांक हारोवन मुसलमानानी गोंयांत येवन बंडाय केली. पूण हें संकट चड काळ उरलें ना. पूण जेन्ना, सोळाव्या शेंकड्याच्या आरंभाक पुर्तुगेज गोयांत आयले तेन्ना ताणी समाज जीण धवळून उडयली. तरेकवार फाग्यांना काडून तांणी बाटाबाटीचें सत्र सुरू केलें. देवळा मोडून इगर्जो बादल्यो आनी गोंयच्या इतिहासात वेगळे तरेची उचांबळाय उप्रासली.

आयज ह्या इतिहासाचे घाय पेखिल्ले आसले तरी त्या घायांच्यो मावो तशोच उरल्यात आनी तातूंतच एक गजाल दिसून येता की विदेशी राजकर्त्यांनी आनी धर्मकुइड्यांनी शस्त्रांच्या बळाचेर, दंडाच्या धाकार गोंयचो समाज विखंड करपाचो यत्न केल्लो आसलो तरी जाण्टेल्यांच्या गिरेस्त दायजाचे आमी दायजी ही भावना गोंयच्या समाजाच्या दर एका घटकाच्या मनांत थीर रुजिल्ली आसा. देखूनच किरिस्तांव जरी इगर्जेंत गेलो आनी ख्रिस्ती धर्माच्या आचार विचारांक ताणें पाळो दिलो, तरी हिंदूंचीं देवदेवळां हीं आपल्या पुर्वजांचीं दायजां ही भावना ताच्या मनांत सदांच उरता. केन्नाकेन्नाय आमकां असो चमत्कार पळोवंक मेळटा की आमचे किरिस्तांव भाव पूजा प्रसादाखातीर तितलेच भक्तीन देवळांनी वतात आनी तांचे हिंदू भाव तितलेच श्रद्धेन इगर्जांनी वचून देवाक होरायतात. अशे तरेन हिंदू आनी किरिस्तांव ह्या दोन धर्मांक जोडपी साबार देवळां आनी इगर्जो गोंयांत आसात तांचे मदलेच कासावले गांवचें दोंगरा माथ्यावयले रेमेत सायबिणीचें कपेल.

म्हजें सगलें भुरगेंपण कांसावली गांवांत गेलें. संवसाराची पयली वळख आनी जिणेंतले पयले संस्कार हांवें त्या गांवच्या वाठारांतच घेतले. थंयची दर्यावेळ आनी दोंगुल्ल्यो, झाडां आनी पेडां, मनशां आनी वझरे सगल्यांकडेन म्हजी एके तरेची संवकळ. एके एके वस्तीकडेन जिणेंतली एक अभुरपिकी याद घुस्पल्ली उरल्या. आनी तातूंतय रेमेतीच्या दोंगराकडेन तर म्हजें भावनीक नातें निर्मल्लें आसा. थंयच्या दर एका झाडाक आनी तळपाक, कपेलाच्या प्राकारांत आनी सकल्या वझऱ्याच्या म्हऱ्यांत चार वाटांच्या चारय पाजांनी... फातरा कणकणीं जिणेंतले मोलादीक खीण जोडिल्ले उरल्यात. भुरगेपणांत अभ्यास करपाच्या निमतान वा निखटें हेडपाखातीर जसो हांवें ते दोंगुल्लेचेर वेळ सारला, तेच भाशेन जाण्टेपणांत लेगीत सुखाचे आनी खंतीचे खीण मनांत दाटून आयले तेन्ना तेच दोंगुल्लेचे फाटीचेर हांवें वेळ सारला. रेमेतीच्या दोंगरान म्हाका खूब खूब दिलें. केन्ना केन्नाय अशें दिसता, म्हजो पसो उणो पडलो. त्या दोंगराचें रीण जिणेंत फारीक जावचें ना. थोडेंशें कळांतर फारीक करपाचो हो यत्न.

लहानपणांत पयले खेपे हांव ती दोंगुल्लो चडून गेल्लों, त्या प्रसंगाचो उगडास म्हज्या मनांत धट उरला. गांवची रचणूक दोळ्यांमुखार हाडली जाल्यार आमकां दिसतलें की जाका रेमेतीचो दोंगर म्हणटात तो उदेंतेकडेन आसा. सकाळच्या वेळार त्या दोंगराच्या मुळसांत बशिल्ल्या गांवच्या लोकांनी सुर्योदय पळोवंचेलो जालो जाल्यार ते दोंगुल्लेकाटल्यानच सूर्यचींब वयर सरता तें तांकां पळोवंक मेळटा. एके भाशेन रेमेतीच्या दोंगरान त्या पांचय गांवांचें पूर्व क्षितीज व्यापलां. अस्तंतेकडेन दर्या दर्याची वेळ खोला (दाबोळी) सावन दक्षिणेकडेन खोला (काणकोण) मेरेन शेकान शेक पातळ्ळ्या. भुसभुशीत रेवेची रुप्याची वेळ. खोला लागसार मुरगांवचें भूशीर सुरू जाता आनी श्रयच एक खाडी (पोंय) आरशी जी एके भाशेन कांसावलेचे पंचक्रोशीची उत्तरेकटली शीम जावन बसल्या. ते वेळेरसावन दक्षिणेकडेन आरशीच्या टोंकामेरेन रेमेत सायबिणीचो प्रदेश पातळ्ळा.

मुखांत गांवचें नांव कितें आसलें? जाण्टे जाणकार सांगतात, आमी आयकलां ते भाशेन ह्या पांच गांवांच्यो चार ग्रामसंस्था आसल्यो आनी त्या ग्रामसंस्थांन्या पंगडाक कांसरपाली हें नांव आसलें. कांसरपाल ह्या उतरांत कांसावली, आरशी आनी पाली हे वाठार आस्पावतात. पाली ह्या गांवांत वेळसांव आनी कांसावलेच्या गांवांत कुडेली केन्ना एकरूप जाली तें मात सारकें खबर ना.

संस्कृताच्या विस्तारा सागातान गोंयांत ज्यो साबार ग्रामसंस्था उबो

राजाचो कुरोब (मुकूट) भुरग्यांचे तकलेक तेकयतात.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

फेस्ताचे सुवेंक राजा घोडयार वसून इगर्जेकडेन येतात.

लोकांक बरोबार घेवन तीनूय राजा इगर्जेत वचपाक दोंगर चडटात.

फेस्तातले तीनूय राजा.

राजांक, पादिगार कोमुन्यांव दितना.

माटवांत वसून लोक मीस आयकतात.

कांसावलेची इगर्ज.

कांसावलेच्या इगर्जेचो भितरलो देखावो आनीक सायबिणीचो वोल्तार.

जाल्यो तातूतल्यो ह्यो पांच ग्रामसंस्था. दर्यादेगेवयल्या ह्या वाटारात दर एके ग्रामसस्थेचे कक्षेंत एक वेगळें देवूळ आसलें. पुर्तुगेज राज्यकर्त्यांनी धर्मकोल्ल्यांच्या आदारान देवळां उध्वस्त केलीं. खासा पुर्तुगेज राज्यकर्त्यांनी बरोवन दवरलां ते भाशेन नागनाथ, सांतेरी आनी पुरूष हीं तीन देवळां कासांवलेच्या गांवांत आसलीं जाल्यार कुवेली गांवांत वजनेश्वर, महादेव, सांतेरी, ग्रामपुरूष आनी वैजारी ह्या दैवतांची देवळां आसलीं. आरशेच्या देवळांनी भोगेश्वर, ग्रामपुरूष, वेताळ, महादेव आनी सप्तमातृका हांचीं देवळां आसलीं. तातूंतलें भोगेश्वराचें देवूळ तळावली (फोंडें) गावात आसा. पाली गावात दुर्गादेवी, ईश्वर, बाराजण, ग्रामपुरूष, आदीपुरूष, धारेश्वर, वाटसरू आनी गोरचारो नांवांची देवळां आसलीं. आनी वेळसांव गांवांत महादेव, केळबादेवी आनी ग्राम पुरसाची देवळां आसलीं. पुर्तुगेज राज्यकर्त्यानी हीं देवळां कशीं मोडलीं आनी थंयच्या लोकांक कशे तरेन बाटोवन किरिस्तांव केल्यात हाचीं वर्णनांय वाचूंक मेळटात. ह्या वर्णनावयल्यान एका काळाचेर हे पांच गाव आनी त्या गांवच्यो ग्रामसस्था कितल्यो समृद्ध आशिल्ल्यो हाची आमका कल्पना येता.

ह्या देवळामदी आज जिका रेमेत सायबीण म्हणटात त्या दोंगुल्लेवयल्या देवळात खयचें दैवत आसलें? खंयचीय तरी ती देवता आसली हे विशीं गावकाराचें एकमत आसा.

गांवांत अशी एक दंतकथा घोळटा, जी लोक एकमेकाक मोठ्या अभिमानान सांगतात ती अशी :

रेमेतीच्या दोगरार एक देवी आसा हें पुर्तुगेजांक खबरच नासलें. दोंगराचेर दाट रान आसलें आनी त्या रानामदी ल्हानशें देवूळ. अशी एक मान्यताय आसा की ह्या सप्तमातृका म्हणचे सात भयणीची सात देवळां गोंयात आसलीं. बाटाबाटीच्या वेळार थोडीं देवळां उध्वस्त जालीं आनी त्या देवळांचे सुरक्षीत थळाचेर स्थलांतर जालें. तीन दैवतांचें स्थलांतर जावंक पावलेना, जी कालांतरान पुर्तुगेज राज्यकर्त्यांचे आनी धर्मकोल्ली लोकांचे तावडीत सांपडलीं आनी ताचें कपेलानी रुपातर जालें. आज लेगीत हीं तीन कपेला तीन दोंगुल्ल्याचेर वशिल्ली आसात. आनी थंय दर वर्सा एकेच तरेचे दबाजे जातात. तातूतलो मुखेल दबाजो जानेवारी म्हयन्याचे स तारखेक जाता. ह्या फेस्ताक तीनय वाटारानी रेयाचे वा रायाचें फेस्त म्हणटात.

कांसावलेच्या फेस्ताचो इल्लो तपशील आतां आमी पळोवया. कांसावली, कुवेली आनी वेळसांव, पालीच्यान रेमेतीचो दोंगर चडून वचूंक तीन पाजो आसल्यो. अजूनय त्यो आसात. चंद्रनाथ पर्वत चडून वचचे खातीर जे तरेच्यो पाजो बांदिल्ल्यो आसात तेच तरेच्यो ह्यो खूब पुर्विल्ल्यो पाजो. चिरे रचून बांदिल्ल्यो ह्यो पाजो लोक पांयांनी चडून वतालो. सगल्यो पाजो दोंगुल्लेच्या माथ्याचेर कपेलाकडेन पावतात. दोंगर माथ्याचेर सगल्यांत उंचयल्या भागांत कपेल आसा आनी त्या कपेलाचे कुशीक आशिल्ल्या विशाळ आंब्याच्या रुखान आपल्या दाट खांदयांची सत्री त्या कपेलाचेर धरल्या. ताका लागून चारय दिकांनी व्हांवतल्या मेकळ्या वाऱ्याची शितळसाण थंय पावतल्या मनशाक पयलीं अणभवूंक मेळटा. दाट रुखाची सांवळी आशिल्ल्यान वताचो धग लागना. एके खेपे वयर पावलो म्हणटकच दोंगुल्ली चडिल्ल्याचो शीणभार ल्हव जाता आनी एका नव्या वातावरणांत पाविल्ल्याची खोशी अणभवंक मेळटा.

एकाद्दो राखणो आपल्या गोरवांक मेकळीं सोडून आंब्याच्या वा बोरीच्या मुळांत बसून कातरां म्हणटना मेळ्ळो जाल्यार भोंवडेकाराचें नशीब. ताचेकडेन सांगपासारक्यो खूब गजाली आसतात. कांय कल्पीत आसूं येत तर कांय ताणें आयकल्ल्यो आसूं येतात. पूण रेमेत सायबिणीचे भक्तीन थपथपिल्ल्यो त्यो गजाली.

पयलीं दर्शन घडटा तें अस्तंतेकडल्या दर्याचें, उपरांत उदेंतेच्या मध्याक सावन उत्तरेमेरेन व्हांवतले जुवारी न्हंयचें, दर्यावेळे मेरेन दाटायेन थोलतल्या माडांच्या चुट्टांच्या पिसाऱ्याचें, एके वटेच्यान मडगांवचे माँती वयलो सगलो संवसार एकेच नदरेंत आस्पावन घेवपाची खोशी अणभवले उपरांत त्या राखण्याक हटकुचो. पयल्या उल्याकच तो धांवत येतलो. येदो वेळमेरेन तो दोंगर चडून आयिल्ल्या तिरायताक तेळीत आशिल्लो. हो कोण आगांतूक, कसली आगळीक करूंक आयला हो आपल्या मनांतलो दुबाव उक्तायना आसतना तो ताचेर नदर दवरून आसतलो. आयिल्लो मनीस भावार्तान आयला अशें दिसलें जाल्यार तो ताका सायबिणीच्यो खबरी सांगतलो. भोंवडेकार कसो दिसलो जाल्यार तो थंयच्या सैमाचें वर्णन करतलो. कुवेलीचे दिशेन सकयल्या वाठारांत आशिल्ल्या गोड उदकाच्या वझऱ्याकडेन बोट दाखयतलो, नाजाल्यार कपेलाच्या फाटल्या अर्दान कांट्याकुट्यांमदीं आशिल्ल्या वझऱ्याच्या कुंडाचे वखदी गूण समजावन सांगतलो.

''हें उदकच सायबिणीचें तीर्थ कशें''. तो म्हणटा, ''वायटकाराक ताणें गूण मेळटात. दोंगराचेर कांयच उणें ना. माडासारके वाडिल्ले खाजराचे

रूख आसात. जळामळाक काजूचीं झाडां, काण्णां आनी चुन्नां. तेच भाशेन चारां. दोंगरावयले खाजूर वेगळे. खाजराक शेवकां फुट्टात तेन्ना फळांचो रंग पोपटी पाचवो आसता. आकार काफ्यांच्या बियां येदो, गीम तापता तशें वोत पियेवन ह्या फळांचो रंग हळडुवो जावंक लागता. ल्हवू ल्हवू तो तामसार जायत वता आनी अचकीत जेन्ना काळो जाता, तेन्ना तो खाजूर पिकिल्लो आस्ता. चारां, चुन्नां, काण्णां आनी हेर फळफळावळ आनी तरेकवार रूखावळ गोंयच्या हेर वाठारांनी पळोवंक मेळटा. पूण खाजूर हें रेमेतीच्या दोंगराचें वेगळेंपण म्हणूं येत.

''विडयांक उपकारतात तीं कुड्याचीं पानां, पत्रावळींक उपकारत अशीं रुंदेलीं दुसरीं पानां, तरेकवार वखदांचीं झाडां, पाळां आनी वाली, बोरां आनी तोरां, सगलें ह्या दोंगराचेर आसा.'' तो राखणो सांगूंक लागता.

मागीर ल्हवू ल्हवू उगडासाची चिड्डल्ली पाकळी उसोवंची आनी फुलाचें रूप, ताचो रंग आनी गंध फांकारूंक लागचो तशी त्या राखण्याच्या तोंडाची कळी फुलता आनी तो सांगता, ''तूं जाणा, आदीं आमी सगले हिंदूच आसले आनी हें आमच्या गांवचें देवूळ आसलें.''

''अशें कित्यावयल्यान म्हणटा तूं?'' असो ताका परतो प्रस्न विचारलो जाल्यार तो दोंगराचे कुशीचे दरींत देंवता आनी आगंतुकाक आपल्या सांगातान आपयता. हिंदू देवतांच्यो पाशाणी मुर्ती थंय आसात त्यो दाखयता आनी विचारता, ''ह्यो मुर्ती पळयल्यो?''

मुर्तीच्या लागसार वचपाचो यत्न केलो जाल्यार तो आडायता आनी म्हणटा, ''तुजो भशटकार जातलो! पयस राव. तूं जाणा, हांवें म्हज्या दोळ्यांनी पळयलां. जेन्ना वतायें किर्णां हे मुर्तींचेर पडटात, तेन्ना नाग आपलो फणो फुलोवन तांकां सावळी घालता!''

ह्या राखण्याकडेन चड चर्चा जावपासारकी नासता. वाद घालपांत तर अर्थच नासता. प्रस्न जण एकल्याच्या भावार्ताचो, तरीय ताका विचारूं येता, ''मूळ देवतेचें नांव कितें?''

''सायबीण हें पुर्तुगेजाचें नांव न्हय.'' तो सांगता, ''सायबीण हें आमच्याच लोकांनी देवतेक दिल्लें नांव. दुसरें नांव आसल्यार म्हाका खबर ना.''

आदीं देवळांत गांवचो लोक येतालो काय ना? थंय कसले उत्सव जाताले? हे सारकिले प्रस्न ताका विचारले जाल्यार तो आपल्या भावार्ताक दुबाविल्ल्याची नुरा करून आनीक एक आख्यायिका सांगता:

''जेन्ना सगलो गाव किरिस्तांव जालो, तेन्ना गांवचे हिंदू म्हळ्यार

आमच्या जाण्टेल्यांचे भाव आनी भयणी गांव सोडून पयस गेले. हांगा उरले ते बाटले. दोंगराचेर घरां नासलीं. दोंगरा भोंवतणीं रान आसतालें. थंय देवूळ आसा हें पाखल्यांक खबरूच नासलें.... सद्दां फांतोडेच्या वेळार सायबीण दोंगर देंवन वेळेर न्हावंक वताली.'' इतलें सांगून पठारावयल्या एका जाग्याचेर तो ओडून व्हरतलो आनी मुखार पळोवंक सांगतलो. मुखार धोलत्या माडाचीं चुडटां, तांचे पलतडीन रुप्याची चकचकीत वेळ आनी ते वेळेचे कुशीक फेंसाळ हांसो हांसून भुंयेचे पांय अखंड धुवपी निळ्या दर्याचीं ल्हारां.

''थंय एक पारो आसा. आतां तो शिमिटान बांदून काडला.'' तो सांगतलो, ''ते वेळेर सायबीण न्हावंक वताली. आपलें न्हेसण ते फातरीचेर दवरताली. रेंवेमदीं वयर सरिल्ले तें एक तळप आसलें. सायबीण न्हावन परत आयले उपरांत त्या तळपाचेर सायबीण बसून ध्यान करताली. दीस उजवाडचे आदीं ती परत देवळांत येवन रावताली. ते उपरांत ती भायर सरना आसली.''

सांजच्या वेळार जर आगंतूक थंय पाविल्लो आसत जाल्यार अस्तंतेकडल्या मळबाची गुलाबी सया ताचे नदरेंत भरतली. येदो वेळ उज्याचो गुळो कसो चकचकतालो तो सूर्य तांबडो जावंक लागता आनी ल्हवू ल्हवू करून अस्तंतेच्या क्षितिजाचेर देंवन आपले अर्द दिसाचे यात्रेचे अखेर संवसाराचो निरोप घेवपाची तयारी करता. सुर्यास्ताचो तो अप्रूप देखाव आनी दिगंताच्या चारय दिकांनी आपल्या घोंटेरांत परतूंक लागिल्ले सवण्यांचे चोंबे... एकाद्रें सपन सृश्टींत पाविल्ल्याचो अणभव त्या वेळार घेवंक मेळटा.

आतां राखण्याक घरा परतुपाची ताकतीक आसता. जळामळाक शिंपडिल्लीं आपलीं गोरवां आमडून ताका गांवांत परतुपाचें आसता. ताका काळोख जावंचे आदीं घरा पावपाचें आसता.

''तूं आतां वच.'' तो राखणो आगंतुकाक सांगतलो, ''हांवें पळोवंक ना. पूण रातीवेळार हांगा कोण रावना. भुतां येतात अशें म्हणटात. खरें फट हांव नकळो. पूण जाणा तूं, स जानेवारीचे रातीकडेन मात हांगा भुतांची जात्रा भरता ती हांवें पळयल्या.''

''तूं आयिल्लो?'' असो प्रस्न विचारलो जाल्यार तो जाप दितलो, ''ना. जितो मनीस राती वेळार हांगा येवंकच पावचो ना. पूण रातीकडेन आमी दिवे पळयल्यात, दिवळ्यो पळयल्यात आनी दोंगरामाथ्यावयलो बोवाळ गांवांत रावनच देखला.''

''पूण दोंगरार येवंक आतां मोटारीचो रस्तो आसा न्हय?''

''आसा.'' आपली नाराजी उक्तायत तो म्हणटलो, ''आतां मर्नीस वचत धयच्यान देवाक आनी देवचाराक धावडावक लागला. मोटारा येतात आनी विजेचे दिवे पेट्टात.''

''पूण एक साग, ह्या दोंगराच्या रानांत येवन सायबीण कित्याक राविल्ली?''

''लोकांच्या बोवाळापसून पयस रावचें देखून न्हय? म्हाका जाल्यार आता भिरांत दिसता. एक दीस सायबीण हें कपेल सोडून वतली.''

ताका आतां उलोवपाची फुरसद नासता. तो गोरवाक साद घालता पूण तुमच्या मनांत एक प्रस्न उरता. सायबिणीक बाटयली कशी? ताचे सागातान आडवाटेन दोंगुल्ली देंवलो जाल्यार ती जापय तो दिता.

''एक दीस पाखले व्हड्यान वताले. ताका रात जाली. देगेलागशिल्ल्यान व्हडें वतना तांणी एका तळपाचेर ध्यानाक बशिल्ली रायबीण पळयली. रोखडीच ताणी ती खबर सरकारी आनी धर्मीक अधिकाऱ्यांक सागली. पाखल्यानी आपले मनीस पाळत दवरूंक नेमले. त्या मनशानी सायबीण कशी येता, केन्ना येता आनी खंयचे वाटेन परत वता तें पळोवन घेतलें. निमाणे कितें केलें जाणा तूं? त्या तळपाचेर सायबीण येवपावेळार ओलें शिमीट लावन दवरलें. सायबिणीन तें पळयलें ना. ती ध्यानाक बसली. थंय तिचे पाय घट्ट जाले. पाखल्यांनी तिका धरली आनी बाटयली.''

बाटाबाटीच्या वेळार तरेकवार कल्पीत कथा समाजामदी पातळिल्ल्यो, तातलीच ही एक कथा. असल्या कथांचेर आयच्या युगातले लोक विस्वास दवरिनात, हें त्या राखण्याकय खबर आसता. तो चलतां चलतां उबो रावता आनी सांगता, ''फट जाल्यार वेळेर वचून पळय. अजून थंय तें तळप आसा आनी त्या तळपाचेर सायबिणीचीं पावलां उदेल्लीं आसात आनी व्हड माड आनी रूख आसतनाय त्या तळपावयल्यानच हें कपेल निवळ बरे दिश्टी पडटा.''

आज वेळसावचे वेळेचेर तो तळपाचो पारो रैवे पोंदा पुरवल्लो आसलो तरी आख्यायिकेक बळ दिवपी तो पारो आनी ती पावलां म्हज्या भुरगेपणात हावे म्हज्या दोळ्यानी पळयिल्लीं.

-: ooo :-

पणजेसावन मडगावचे दिशेन वतल्या सतरा नंबरच्या राष्ट्रीय महामार्गाचेर वेर्णें पठाराचेर पावना फुडें उजव्या हाताक दाटीवाटीन आशिल्ल्या दोंगुल्ल्याकडेन नदर गेले बगर रावना. वेळ सकाळचो आसूं व, रखरखत्या दनपारचो आसूं ना जाल्यार सुर्यास्ताचो आसूं, वेर्णेच्या उकत्या पठाराचेर चारय दिकानी व्हांवतलो मेकळो शितळ वारो सुखदिणो आसता. पूण नदरेक सुखावपाचे दृश्य म्हळ्यार दोंगुल्लेवयलें धव्या वर्ण्टांचें कपेलच म्हणूंक जाय. हेंच नें रेमेत सायबिणीचें कपेल.

वेर्णें पठारावयल्यान एक रस्तो विमानतळाचे दिकेन वता, जो दाबोळी, कांसावली मार्गाक मेळटा. कांसावलेच्यान दुसरो रस्तो वेर्णेचे इगर्जेमेरेन वचून पत्त राष्ट्रीय महामार्गाक मेळटा. ह्या खंयच्याय रस्त्यान वतल्या येतल्याची नदर एके कुशीन आशिल्ल्या दोंगुल्ले वयले रेमेत सायबिणीच्या कपेलाचेर वता.

जानेवारी म्हयनो लागनाफुडें ह्या दोंगराचेर वेगळे तरेची तयारी सुरू जाता. फातोडेच्या वेळार कपेलाच्यो घांटी वाजूंक लागतात आनी थंय खाशेल्यो प्रार्थना जातात. ५ जानेवारीक तर ते दोंगुल्लेचेर जात्राच भरता. दुसरो दीस ६ जानेवारीचो. तो दीस मुख्य फेस्ताचो. जाका रायांचें (रेयांचे) फेस्त अशें म्हणटात. हें फेस्त म्हळ्यार पंचक्रोशींतल्या गांवचो भौशीक दबाजो. घरा कणकणी ह्या फेस्ताच्या दबाज्याच्या उमेदीचीं ल्हारां पळोवंक मेळटात. घर ल्हान आसूं वा व्हड, घरांतलीं ल्हान व्हड मनशाक फेस्ताक वचून सायबिणीचें दर्शन घेवंक, एकाद्री आंगवण पावोवंक ना जाल्यार वर्सुकी कर्तव्याक पाळो दिवपाचे भावनेन भायर सरतात. दोंगरार चडटल्या आनी देंवतल्या लोकांच्यो रांगो पयसुल्ल्यान लेगीत पळोवंक मेळटात. आतां पाळीचे वाटेन कांसावली, कुट्ठाळी रस्त्याचो एक फांटो दोंगराचे तेंगशेमेरेन गेला. ह्या रस्त्यावयल्यान तरेकवार वाहनां घेवनय लोक देवतेच्या दर्शनाक वतात.

पुर्तुगेज भाशेंत हे देवतेचे नांव Nossa Senhora dos Remedios आनी फेस्ताचें नांव Festa dos Reis अशें आसा. मूळ देवतेचें नांव बदलून रेमेदीयुश हें नांव आतां रूढ जालां आनी ताचोच सुटसुटीत अपभ्रंश रेमेत असो जाला.

६ जानेवारीचें फेस्त केन्ना सुरू जालें, हें कोणाक खबर ना. गांवचे जाण्टेले सांगतात की खूब आदल्या काळार सावन हें फेस्त लोक मनयत

आयल्यात. मंदिराच्या ख्रिस्तीकरणा उपरात कपेल जालें आनी देवतेचें नाव बदलून रेमेदीयुश जालें. ते आदी सावन रेयाचें फेस्त चलतालें. ख्रिस्तीकरणा उपरात लेगीत लोकाच्यो भावना मतीत घेवन पुर्तुगेज राज्यकर्त्यांनी आनी ख्रिस्ती धर्मगुरूनी हे फेस्त तेच तरेन मनोवपाची प्रथा चालू दवरली.

सामान्यतायेन गोंयच्या देंवळानी जात्रा आनी उत्सव जातात, ते पावसा उपरात. गोंयात शियाचे दीस हेच उत्सवाचे दीस. मूळ देवतेचो उत्सव अशाच दिसानी जातालो आसूंक जाय पूण ख्रिस्ती धर्मगुरूनी हेरलेडेन फेस्ताचे दीस थारावन दिले ते तरेन कासावलीच्या रेयाच्या फेस्ताचो दीस ६ जानेवारी हो थारावन उडयलो

मुळांत ह्या फेस्ताची कल्पना कशी आसलें तें आदी समजून घेतलें जाल्यार जायत्या प्रथा आनी परपराचो उलगडो आपसूक जातलो ग्रामसस्था हो एक घटक ग्रामसस्थेचें वेवस्थेंत गावचें नायकत्व एका घराण्याकडेन आसल्याने तोच गावचो मुखेली. राजा बदललो तरी मुखेली तोच उरतालो. तो मान एका घराण्याचो आसलो आनी घराण्याक तो भौमान गावच्या भौसान आपखोशायेन दिल्लो राजाकडेन उलोवणीं करूक वा गावाचें प्रतिनिधीत्व करूक होच मुखेली वतालो. बऱ्या वायट प्रसगाचेर गावच्या धा जाणांची बसका घेवन लोकाक विस्वासात घेताले आनी त्या प्रसगाक तोंड दिवचेखातीर लोक एकवठान पावला उखलताले. मुखेल्याची जापसालदारकी व्हड देखून ताचो मान मोटो आसलो.

गावा कणकणीं देवळा आसतालीं आनी त्या देवळाचे कुळावी आसताले. पूण गावाभायर दोंगरार आशिल्लें देवूळ मात पाचय गावांचें ही भावना आसताली. देवतेची गावचेवतीन पुजा, प्रार्थना करचे खातीर दर एका गावचो एक प्रतिनिधी देवळात वतालो. गावचो प्रतिनिधी जावन देवळात वता आसतना ताच्या आगार मानाचो भेस आसतालो आनी तो घोड्यार बसून दोंगरार वतालो. लग्नाक वतलो न्हवरो भायर सरता तसो प्रतिनिधी घोड्यार बसतालो आनी ताचे कुशीक मुखेली आनी हेर गावकार चलून दोंगर चडटाले.

६ जानेवारीक ह्या गावात वचून पळोवचें. त्या दिसा ह्या तीन गावचे प्रतिनिधी जावन गावचे तीन भुरगे आगार राजाचो भेस चडोवन, माथ्याक मुकूट घालून सजयिल्ल्या घोड्याचेर बसून दोंगुल्लेचे दक्षिणेवटेनच्या

मार्गान भाटां आनी शेतांचे पांय वाटेंवयल्यान फुडें सरून मिरवणुकेन दोंगराची पाज चडटात. मिरवणुके सांगातान वाजंत्री आसतात. आपल्या आपल्या गांवच्यान भायर सरिल्ले हे राजा दोंगराच्या तळाकडेन एकठांय येतात आनी मागीर सगल्यांमुखार कांसावलेचो राजा, मदीं कुवेलीचो आनी निमाणें आरशेचो. अशे तीनय राजा माथ्याचेर रंगीत सत्र्यो फुलोवन दोंगर चडटात आनी वाजंत्र्यांच्या तालाचेर मिरवणुकेंतले गांवकार तांच्या फाटल्यान पावलां उखलतात. परंपरेन जे वाटेन हे राजा दोंगरार वताले तेच अरूंद पाळणींतल्यान पांयवाटेन आनी पाजेवयल्यान ही राजांची मिरवणूक वता. नव्या डांबरी मार्गाचो ते वापर करिनात.

दोंगराचे तेंगशेर पावतकच कपेलाचो मुखेल धर्मगुरू ह्या राजांच्या येवकाराक मुखार येता आनी तांका घेवन कपेलांत भितर व्हरून मानाच्या आसनाचेर बसयता.

६ जानेवारी दिसा फांतोडेरच कपेलांत खाशेलीं मिसां जायत आसतात. पूण रायांचे हजेरेंत जें मुख्य मीस जाता, तें सकाळीं ११ वरांचेर आसता. पांचय गांवचे गांवकार हें म्हीस चुकयनात.

फेस्त म्हळें म्हणटकच फेरी आयलीच. ती विशाल पठाराचेर भरता. तरेकवार दुकानां आनी मांड थंय आसतात.

मुख्य प्रार्थना जातकच तीनय गांवचे राय सायबिणीक नमन करून दोंगर देंवतात. ते मेरेन दनपारचीं साडेबारा जातात. दोंगर देंवतना मुखार आसता आरशीचो राय आनी निमाणो कांसावलेचो. कुवेलीचो मदीं रावता. देवतेची भेट घेवन येतल्या रायाक गांवात घरा कणकणीं येवकार मेळटा. एका काळार गांवच्या लोकाक ते देवतेचो प्रसाद वांट्टाले. आतां येवकाराची तरा वेगळी जाल्या. घरा मुखार घोडो थांबलो म्हण्टकच राजाच्या माथ्यावयलो मुकूट घरच्या लोकांच्या माथ्याक तेंकोवन तो परत राजाच्या माथ्यार दवरतात. राजाच्या हातांत एक खुरीस आसता. घरांतले लोक ताचो उमो घेतात. जे भावनेन देवळांत वचपी हिंदू भावीक कपलाक देवाचो आंगारो लावन घेतात, तेच भावनेन राजाचो मुकूट आपल्या माथ्याक तेंकलो जाल्यार वर्साखातीर देवाची राखण मेळ्ळी अशें लोक मानतात.

-: ooo :-

रिस्तांव धर्मगुरूनी ह्या फेस्ताचो सबंद बायबलातलें कथेकडेन कि जोडला. ते सागतात की ज्या वेळार जेरूसलेमात येशू ख्रिस्ताचो जल्म जालो, त्या वेळार उदेंतेच्या मळबात एक तेजिश्ट नखेत्र उदेलें. हें नखेत्र तीन जाणकारानी पळयले. ज्योतिष आनी खगोलशास्त्राचें ग्यान आशिल्ल्या ह्या तीन जाणकाराची नावा गाश्पार, बाल्ताझार आनी बेल्शीयोर अशीं आसलीं.

हया तीनय जाणकारानी तें नखेत्र पळोवन अशें सागलें कीं मळबात उदेल्लें नखेत्र एक अवतारी पुरूस जल्माक आयिल्ल्याची गवाय दिता.

ते तिगूय ह्या नखेत्राचो वेध घेत रावले. पळयता पळयता हें नखेत्र फुडें फुडें वचूक लागलें. (काय जाणाच्या मतान तें नखेत्र म्हळ्यार धुमकेतू आसलो.) नखेत्रा फाटल्यान चलत चलत हे तीगय जाणकार जेन्ना जेरूसलेमात पावले, तेन्ना मळबातले नखेत्र एकदम ना जालें.

जेरूसलेमांत त्यावेळार ॲरोदेर राजाची सत्ता चलताली. तिगूय जाणकार राजासरीं गेले आनी सर्गीच्या सकेताची खबर ताका सागली.

राजाक दिसलें, जर कोणय बळिश्ट सम्राट जल्माक येवचेलो आसत जाल्यार तो फाटी फुडे आपणाक सत्तेभायर करीत देखून तो व्हड जावचे आदींच ताका मारून उडयिल्लो बरो. राजान फर्मान सोडलें कीं आपल्या दुतानी सगलो वाठार सोदचो आनी त्या दिसानी जल्माक आयिल्लीं सगलीं भुरगीं मारून उडोवचीं.

हे वचन राजवाड्यातल्यान जेन्ना हे जाणकार भायर सरले, तेन्ना तांणी मळबात परत तेंच तेजिश्ट नखेत्र पळयलें. नखेत्राचे दिकेन ते चलत रावले. निमाणें तें नखेत्र अशे एके सुवातेचेर थिरावलें, जय सकल एक गोठो आसलो ते त्या गोठ्यात भितर सरले. थंय पळय जाल्यार मेरीगेर भुरगो जालो आनी ताचे तकलेभोवतणी तेजोवलय आसा.

ते तेजोवलय पळयना फुडें जो अवतारी पुरूस जल्माक आयला तो होच म्हणपाचो दुबाव त्या जाणकाराक उरलो ना. ते तिगूय बाळक जेजूक पाया पडले आनी तांणी ताका भागर, धूप आनी एक परमळीत झाडाचो अर्क ओपलो ह्या झाडाक इग्लीश भाशेत Myrrh, अशें म्हणटात. ह्यो तीन वस्तू तीन गजालांची प्रतिका आसलीं. जल्मल्ले बाळक हें सम्राटाच्या तोलाचे जाल्यान ताका तांणी भागर ओपिल्लें ताच्यात देवपण आशिल्लें

देखून धूप ओंपिल्लो आनी ''मर्र'' ही ताच्या वाट्यांक येतले पिडापिडीचेर वखद आसलें.

ख्रिस्ती धर्मगुरू सांगतात की ख्रिस्ताचे भेटेक गेल्ल्या ह्या तीन जाणकारांचें प्रतीक म्हणून तीन राजांचें फेस्त मनयतात.

पूण गांवचे भावार्ती लोक लेगीत ह्या फेस्ताचो बायबलांतले काणयेकडेन संबंद जोडूंक कबूल जायनात. आपले परंपरेचो अभिमान बाळगुपी सांगतात की कांसावलेचें फेस्त हें ख्रिस्तपूर्व काळाक सावन चलत आयलां. तें गांवच्या लोकांचें फेस्त आनी तें फकत किरिस्तांवांचें न्हय तर सगल्या गांवकरांचें.

गांव पांच आनी राजा तीन कित्याक असोय एक प्रस्न मनांत उप्रास्ना हे संबंदीं गांवचो लोक तरेकवार जापो दितात. आदल्या काळार पार्ली आनी वेळसांव ह्या दोनूय गांवचो मेळून आनीक एक राजा दोंगराचेर येतालो. एक वर्स गांवच्या लोकांक घोडे मेळ्ळे नात. देखून, एक रेडो सजोवन राजाक ताचेर बसयलो. रेडो दोंगर चडून गेलो. पूण दनपारच्या वताच्या रखरखांत तो टळटळ्ळो. दोंगर देंवता आसतना ताका पयस पालीचें तळें दिश्टी पडलें. तो रेडो धांवत गेलो आनी तळ्यांत भितर सरलो. फाटीर बशिल्ल्या राजाक मरण आयलें. देखून, तेन्नाच्यान वेळसांव आनी पालीचो राजा ह्या फेस्तांत वांटो घेना. कांय जाणांचें अशेंय म्हणणें आसा की आदीं गावचे राय रेड्यांचेर बसूनच देवतेचे भेटेक वताले. पूण त्या अपघाता उपरांत रेड्यांच्या जाग्यार घोडे हाडले. असल्या काणयाचेर कितलो विस्वास दवरप हे जाचें ताणें थारावपाचें.

फेस्त सगल्या गांवकारांचें, हाची गवाय गांवचे हिंदू लेगीत तितल्याच अभिमानान दितात. ६ जानेवारीक रायांचें फेस्त आसलें तरी आदल्या दिसा रेमेतीच्या दोंगराचेर पांचय गांवच्या हिंदूंची जात्रा भरता. तशीं हे पंचक्रोशींत हिंदूंचीं घरां खूब थोडीं. बाटाबाटी उपरांत गांव ओस पडिल्ले. जांकां जमलें तांणी आपल्या देवांचीं प्रतिकां व्हरून पयसुल्ल्या मुलखांचो आदार घेतलो. जे बाटले ते गांवांतच उरले. वातावरण निवळटासर खूब दसकां गेलीं आनी सवस्तकायेच्या वातावरणांत कांय हिंदू कुटुंबां परत गांवांत येवन स्थायीक जालीं.

दोंगुल्लेवयलें देवतेचें देवूळ ते मेरेन कपेल जाल्लें. रेमेत सायबिणीची

थंय प्रतिष्ठापना जाल्ली. पूण देवाचें रूप बदलल्लें, नांव बदलल्लें तरी देवपण बदलना हो लोकांचो भावार्त. वर्सांतल्यान एक दीस सायबिणीचो मान राखूंकच जाय. गांवच्या ग्रामसंस्थांनी हे सायबिणीच्या वर्सुकी उत्सवाखातीर दानां दिवपाची प्रथा आसा अजूनय कोमुनिदादी फेस्ताखातीर दान दितात.

बाटाबाटी उपरांत जे लोक ह्या पांच गांवांनी येवन स्थायीक जाले ते मूळ गांवकार नासले. वेवसाय धंद्याखातीर वा हेर कारणाखातीर जे लोक ह्या गांवांनी रावताले, त्या सगल्यांची श्रद्धा रेमेत सायबिणीचेर आसली. पूण मूळ गांवकारांनी थारायलें, रेमेत सायबिणीची प्रार्थना करपाची मेकळीक सगल्यांक आसली तरी रायांचें फेस्त हें मूळ गांवकाराचें फेस्त उरूंक जाय. ताचे रूप बदलूंक जायना. देखून आयज लेगीत ह्या फेस्ताक फकत मूळ गांवकाराच्या कुटुंबांतले भुरगेच राय जावं येतात. एकच आडवाद दवरलो तो घडये खंयच्याय वर्सा गरजेतल्यान उप्राशिल्लो आसत. मूळ गांवकाराची धूव गांवांतच लग्न करून दिल्ली आसत जाल्यार तिच्या भुरग्यांक राय जावपाचो अधिकार पावता. हीं सगलीं खाशेलेपणां हे पंचक्रोशींतले गांवकार मोटे बारीकसाणेन सांबाळून दवरतात.

गांवांत जेन्ना हिंदू कुटुंबां येवन स्थायीक जालीं, तेन्ना एका काळार हिंदूचें देवूळ आशिल्ले देवतेची पुजा, प्रार्थना करपाचो अधिकार गांवकारांनी तांकांय दिलो. पूण गांवांत आनीक एक प्रथा तांणी सुरू केली. फेस्ताच्या आदल्या दिसा ह्या पांच गांवांतले हिंदू लोक दोंगर चडून वतात आनी देवतेमुखार वाती पेटोवन पुजा प्रार्थना करतात. त्या दिसा पुराय कपेल एके भाशेन हिंदूचे सुवादीन जाल्ले आसता आनी दोंगरा माथ्यावयल्या वाठाराक जात्रेचें रूप आयिल्लें आसता. गांवच्या नव्या व्हंकलांक, नव्यान जल्मल्ल्या भुरग्यांक, सायबिणेचे आंगवणे उपरांत वायटांतल्यान बरे जाल्ल्या ल्हानांव्हडांक, सायबिणीच्या पांयांकडेन व्हरपाचे हे दोन दीस. ५ जानेवारीक हिंदूंचो उत्सव आसलो तरी किरिस्तांव भाव-भयणीय त्या दिसा उत्सवांत वांटो घेतात आनी ६ जानेवारीच्या फेस्तांत हिंदू समाज तितलेच उमेदीन आनी भक्तीन हाजीर रावता.

सायबिणीक आंगवण करपाची ती मेणाची हें ह्या कपेलाचें आनीक एक वेगळेपण. मेणाच्यो वाती, मेणाच्यो दिवल्यो, मेणाचे दोळे आनी कान,

पांय आनी बोटां, बावलीं आनी चित्रां त्या दिसा सायबिणीक ओंपतात. जाची जशी आंगवण तशी तो मेणाची वस्त विकती घेता. देखीक, कोणाच्या हाताक दुखापत जाल्ली आसत आनी ताणें देवतेक आंगवण केल्ली आसत जाल्यार, तो मेणाचो हात देवतेक ओंपता. आनी पंचक्रोशींतल्या लोकांचो भावार्त असो आसा की श्रद्धेन केल्ली आंगवण फळाक आयलेबगर रावना.

६ तारखे दिसा सुर्यास्ताचे आदींच दोंगरावयले सगले लोक सकल गांवांत येतात. तीनसांज जायना फुडें थंय भुतांचें फेस्त भरता अशी गांवच्या लोकांमदीं खूब आदीं सावन मान्यताय आसा. गांवांत खंयय उबो रावलो जाल्यार दिश्टी पडटा अशा दोंगराचेर भुतां येतात, हें पटोवचे खातीर लोक सांगतात की: फेस्ताचे रातीकडेन दोंगराचेर जळा मळाक ऐटिल्ले दिवे आनी उज्याच्यो चुडी दिश्टी पडटात.

पोरणीं कागदपत्रां तपासून कांय नोंदी घेतलो म्हळ्यार तांचो पत्तो लागना. पूण कोमुनिदादीच्या दफ्तरावयल्यान अशें दिसता की देवूळ मोडून कपेल बांदलें तें इ.स. १७२१ वर्सा आनी थंय सायबिणीची एक लाकडी मूर्त बसयली.

मुळांत देवतेची मूर्त पाशाणी आसली. देखून, ती लाकडी मूर्त पळोवन लोकांचो भावार्त बसना जालो. कोरीव पाशाणाची मूर्त रोखडीच मेळप सोपें नासलें. लोकांचो भावार्त वाडोवचे खातीर थंय लाकडाचीच पूण व्हडली मूर्त बसयली. मजगतीं कोणलो ती मूर्त थंयच्यान काडून व्हेली. निमाणें मूळ ल्हान लाकडी मुर्तीची शिमटाची प्रतिकृती करून तिची प्रतिष्ठापना थंय केली.

हे मुर्तीचे रचणुकेंत भारतीय कारागिरीचें दर्शन घडटा आनी देवतेची कल्पना लेगीत हिंदू संस्कृतिल्यान आकाराक आयल्या हें जाणवता. मुर्तीचे फाटल्यान सात फोडांचो नाग आसा आनी तेंच तेजोवलय. असले तरेची मूर्त खंयचेय ख्रिस्ती इगर्जेत सोंपेपणान पळोवंक मेळना.

दंतकथा आनी इतिहास, लोकमान्यताय आनी वदंता हांच्या धाग्यांनी विणिल्लें रेमेतीचें कपेल हें आरशी, कांसावली, वेळसांव, पाली आनी कुवेली गांवच्या लोकांचें श्रद्धास्थान. तातूंत धर्मीक भावपणाचो आनी इतिहासकाळीन एकवटाचो एक संदेश आसा. गांवच्या लोकांमदीं मोग आनी मायपासाचे जाळें विणपी तें एक केंद्र म्हणूं येता.

x·x·x·